# <u>राज्य पातळीचेर वनमहोत्सव मनयलो</u>

ता. 16 जुलय 2020

रानां खात्यान आयज दोनापावला गोंय विद्यापीठा लागीच्या एमडीआर रस्त्यावयल्या जुंव्याचेर राज्य पांवड्यावयल्या वनमहोत्सव कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले. महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात मानाच्यो सोयऱ्यो म्हुण हजर आशिल्ल्यो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या रान वाठाराचो आनी हिरवळीचो सांबाळ करपाची गरज उकतावन हरीत वाठारांत वाड करपा खातीर पावसाळ्यात लोकांच्या सहभागान वृक्षारोपण मोहिम चालीक लावपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

कार्यक्रमाक मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, प्रधान मुख्य रानपाल श्री. सुभाष चंद्रा आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं प्रत्येक तालुक्यातल्या लोकांक फुकट झाडांचे रोपे वाटपाच्या वाहनाक बावटो दाखोवन मोहिमेचो शुभारंभ केलो. लोकांक झाडांचे रोपे वाटपाचे हे वाहन खास करून तालुक्यातल्या बसस्टॅण्डाचेर आसतले. ही मोहिम 31 जुलय मेरेन चलतली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/395

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA